VPCCECM

FYBABED Semester End Examination (Regular/ Repeat)

**Course Title: Functional Konkani & Essay Part-1**

**Subject:** Konkani

**Course Type:** Optional

**Semester:** I **Duration:** 2 Hours **Max Marks:** 70

**Instructions:**

- All questions are compulsory having internal choice.
- Figures to the right indicate maximum marks allotted.

सुचोवण्यो: 1. **सगळे प्रस्न सक्तीचे आसात.**

**2. प्रस्ना सामकार दरेका प्रस्नाचे गूण बरयल्यात.**

**3. नवी जाप नव्या पानार बरोवची.**

---

**प्रस्न 1.) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय तीन प्रस्नांच्यो जापो बरयात.** **(3X5=15)**

1. 'जाणकार-1' ह्या निबंदान बरोवपी खंयच्या तत्वांचेर भाश्य करता?
2. 'शिक्षण' ह्या निबंदान बरोवपी विद्यार्थ्यांक उद्देशून कितें सांगता?
3. 'सुखी मनशाचो सदरो' ह्या निबंदातल्या राजाक सूख खंय मेळटा?
4. 'को अहम' ह्या निबंदात मनशाच्या खंयच्या प्रवृतीचेर बरोवपी बडी मारता?
5. 'वळेसर' ह्या निबंद संग्रहातले गोंयचें चित्रण करपी खंयच्याय दोन निबंदाचो सार तुमच्या उतरांनी मांडात.

**प्रस्न 2.) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय तीन वाक्यांचें संदर्भा सयत स्पश्टीकरण करात.** **(3X5=15)**

1. "तोंड आसा म्हण भरभरत रावचें न्हंय."
2. "चडशे जाण पेपर फुकट वाचतात."
3. "लोकांल्या घरार सुणी चडोवप आनी मागीर पोटभर हांसप हेंच म्हजें जिवीत."
4. "गोंयचे रूख खूब शाणे, खूब सोंशीक."
5. "सैम आमकां एकसारको प्रेरणा दीत आसता."

**प्रस्न 3. ) सकयल दिल्ल्या सगळ्या प्रस्नांच्यो जापो बरयात.** **(5X1=5)**

1. मुर्त नाम म्हळ्यार कितें?
2. विशेशणाचें प्रकार देखी दिवन बरयात.
3. काळ म्हळ्यार कितें तें सांगून काळाचे प्रकार बरयात.
4. जातनामाची देख दिवपी एक वाक्य बरयात.
5. कल्पना खूब हुशार पूण कल्पेश मात मस्तो. (वाक्यांतली विशेशणां वळखून बरयात)

**प्रस्न 4. ) सकयल दिल्ल्या सगळ्या प्रस्नांच्यो जापो बरयात.** **(5X1=5)**

1. बाबुल्या पोरसांत केळ्यांचो __________ पिकलां.( फावो तें रासनाम बरयात)
2. तो सर्तींत तिसरो आयलो. ( विशेशण वळखात)

3. राजा भोंवडेर वता. ( भूतकाळांत बरयात)
4. बापायच्या जोडीचेर पुतान मजा केली.( लिंग बदलात)
5. मामाच्या घरान एकच गाडी आसा. (वचन बदलात)

**प्रस्न 4** 3)अ) 1. तुमच्या वर्गाची हालींच गेल्ल्या सैम भोंवडे विशीं सांगपी घरच्यांक एक पत्र बरयात. **(1X5=5)**

वा

2. कंप्युटर शिक्षणाचें म्हत्व व्हडलो भाव आपल्या धाकल्या भावाक सांगता, अश्या आशयाचे चिटयेचो नमुनो तयार करात.

आ) 1. केंद्र शिक्षण परवरी गोंय ह्या विद्यालयांत कोंकणी शिक्षकाचे सुवाते खातीर अर्ज करात. **(1X5=5)**

वा

2. एका सरकारी कर्मचा-याक अवचीत रजा जाय, अशें समजून त्या अर्जाचो नमुनो तयार करात.

**प्रस्न 5. अ) सकयल दिल्लो उतारो कोंकणीत अणकार करात.** **(1X5=5)**

A good teacher has some outstanding qualities that help him to be an ideal teacher. Such as his teaching method is extraordinary and the art of speaking is very appealing. He makes his lessons interesting to his students. He is like an actor when he delivers his lectures. A good teacher never sits motionless before class. He can bring out the latent talent of a student with proper guidance.

**आ) सकयल दिल्लो उतारो इंग्लीशींत अणकार करात.** **(1X5=5)**

म्हज्या सपनांतलो भारत हो एक देश आसतलो जंय बायलो सुरक्षीत आसतात आनी रस्त्यार मुक्तपणान चलतात. तशेंच, सगळ्यांक समानतायेचें स्वातंत्र्य आसतलें आनी दरेकल्याक तें आपल्या खऱ्या अर्थान भोगपाक मेळटलें अशी सुवात आसतली. तेभायर जात, रंग, लिंग, पंथ, समाजीक वा अर्थीक स्थिती, वंश हांचेमदीं भेदभाव नासता अशी सुवात आसतली. ते भायर उदरगत आनी वाड हांची भरपूर प्रमाणांत दिसपी सुवात म्हणून म्हाका दिसता.

**प्रस्न 6) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय बारा उतरांची परिभाशीक उतरावळ बरयात.** **(1X10=10)**

1. Accountancy
2. Agenda
3. Bacteriology
4. Biology
5. Charges
6. Commerce
7. Contract
8. Estimate
9. Facility
10. Fee
11. File
12. Fund
13. Granted
14. Guidance
15. Handover